गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी-गोंय

पत्रक

## रस्ते खणपाक बंदी

ता.2 ऑगस्ट 2019

11 श्रावण 1941

उत्तर गोंय जिल्होन्यायदंडाधिकाऱ्यान उत्तर गोंयच्या शारी वा ग्रामीण वाठारात जिल्होधिकाऱ्यांच्या पूर्व परवानगी बगर खंयचीय व्यक्ती, संस्था, संघटना, सरकारी खाते, थळावी संस्था वा यंत्रणांक रस्तो वा रस्त्याचो कोनसो खणपाक वा कापपाक मनाय केल्या.

ही बंदी वीज, बीएसएनएल आनी भौशीक बांदकाम खात्याक वीज केबल, टेलिफोन केबल आनी उदका पायपलायन घालपाच्या कामा खातीर लागू आसची ना. तशेंच रस्त्यांची दुरूस्ती आनी उदका पूरवणेच्या वाटप कामा खातीर निर्बंध लागू आसचो ना. पूण अशा कामा खातीर खणील्ले रस्ते कमीत कमी स वराभितर पुरोवपाक जाय आनी 24 वरांभितर योग्य तरेन दांबोर वा क्रॉक्रिट घालून सारखे करपाक जाय.

मा/वाप/एमएस/जॉआ/विगां/प्रधु/2019/416